Panaji National 21st Decmber 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आसामांत 12 हजार कोटी रुपयांच्या अमोनिया-युरिया सारें प्रकल्पाचो बुन्यादि फातर घालतले.

- विकसित भारत जी राम जी विधेयक शेतकारांक आनी मजुरांखातीर फायदेशीर आसा आनी गांवांच्या उदरगती कडेन संबंदीत आसा अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां.

- वायु प्रदुशण आळाबंदा हाडपा खातीर दिल्ली सरकारान 'ग्रॅप स्टेज IV' खाला अंमलबजावणी मोहीम चड खर केल्या.

- संरक्षण क्षेत्रातल्या लाचखोरी प्रकरणात सीबीआयन एका लश्करी अधिकारी आनी नागरीकाक अटक केल्या.

- आयसीसी टी-20 क्रिकेट विश्वचषक 2026 खातीर सूर्यकुमार यादवाच्या फुडारपणा खाला 15 वांगड्यांच्या भारतीय पंगडाची घोशणा केल्या.

PM – 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आसामांतल्या नामरूपांत 12 हजार कोटी रुपयांच्या अमोनिया-युरिया साऱ्याच्या प्रकल्पाचे भूमिपूजन करतले. ते नामरूपांत भौशीक बसकेत उलोवप करतले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल आसामांतल्या गुवाहाटी शारांत लोकप्रिया गोपीनाथ बोर्डोलोई आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या नव्या टर्मिनल इमारतीचें उक्तावण केलें. तशेंच आसामाचो आदलो मुख्यमंत्री गोपीनाथ बोर्दोलोय हांच्या पुतळ्याचेंय तांणी विमानतळार अनावरण केलें. सुमार 1.4 लाख चौखण मीटर परिसरात पसरिलली ही नवी टर्मिनल इमारत दर वर्सा १.३ कोटी प्रवाश्यांच्या क्षमते खातीर डिज़ाइन केल्या.

हे वेळार भौशीक मेळाव्याक संबोधीत करतना मोदी हांणी सांगलें, केंद्र सरकार आसामाचे उदरगती खातीर कटिबद्ध आसा. फाटल्या 11 वर्सांत राज्यांत जायते म्हत्वाचे मुळावे प्रकल्प सुरू जाल्यात आनी पुराय जाल्यात अशें तांणी सांगलें.

PM Bengal – 70

हाचे आदीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अस्तंत बंगालांतल्या नादिया जिल्हयांतल्या रानाघाटांत सुमार 3200 कोटी रुपयांच्या दोन राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण केलें आनी बुन्याद घाली. ह्या प्रकल्पांक लागून वाठारांत अर्थीक उदरगत जातली आनी पुराय वाठारांतल्या पर्यटनाकय चालना मेळटली अशें मोदी हांणी सांगलें.

काल कोलकाता सावन दूरध्वनी वरवीं नादिया जिल्हयांतल्या ताहेरपूरात आयोजीत केल्ले परिवर्तन संकल्प सभेंत उलोवप करतना प्रधानमंत्र्यानि सत्ताधारी वेवस्थेंतल्या भ्रश्टाचार, घराणेशाही आनी तुष्टीकरणाक लागून राज्याचे उदरगतीक आडमेळीं आयल्यात असो आरोप केला.

Prez – 60

करुणा, सहिश्णुता, परस्पर आदर आनी सामुहीक जापसालदारकी हीं मुल्यां फकत भूतकाळातलीं आदर्श नासून, सशक्त आनी सुसंवादी आधुनीक संवसाराखातीर गरजेचीं मूलभूत तत्वां आशिल्ल्याचे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी अधोरेखित केलां. तेलंगणाच्या हैदराबाद शारांत गाचीबोवलीत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयतना राष्ट्रपती मुर्मू हांणी विकसित भारताच्या दृष्टीकोनाखातीर आधुनिक शिक्षणा बरोबर नैतिक बुद्धी, तसेच नवोन्मेषा बरोबर पर्यावरणीय जापसालदारकेचो समतोल गरजेचो आशिल्ल्याचे नमूद केले.

Pm share – 40

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल केंद्रीय मंत्री शिवराज सिंग चौहान हाचो "विकसीत भारत जी राम जी विधेयकाचो उद्देश अधोरेखित करपी लेख शेअर केला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, आधुनीक रोजगार हमी चौकटी वरवीं ग्रामीण उदरनिर्वाहांत बदल करपाचो ह्या विधेयकाचो हेत आसा.

Chauhan – 80

विकसित भारत जी राम जी विधेयक शेतकारांक आनी मजुरांखातीर फायदेशीर आसा आनी गांवांच्या उदरगती कडेन संबंदीत आसा अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. ते काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या चौधरी चरणसिंह पुरस्कार सुवाळ्यांत उलयताले. एक घटमूट वेवस्था तयार करपा हेतान, येता त्या अर्थसंकल्पा खातीर आपलें मंत्रालय शेतकी क्षेत्रा संबंदीत सुचोवण्यो मागयता अशें चौहान हांणी सांगलें. शेतकार, तज्ञ, आनी शेतकी शास्त्रज्ञांक एकठांय हाडून प्रभावीपणान येवजण्यो तयार करपा खातीर चिंतन शिवीर सुरू केल्या अशें चौहान हांणी सांगलें.

Nadda – 65

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा आनी राज्यपाल आनंदी बेन काल लखनौत किंग जॉर्ज मेडिकल युनिव्हर्सिटीच्या दीक्षांत सुवाळ्याक हाजीर आशिलली. ह्या वेळार उलयतना नड्डा हांणी आयुष्मान भारत प्रधानमंत्री जन आरोग्य येवजण (पीएमजेए) ही संवसारांतली सगळ्यांत व्हडली भलायकी विमो येवजण अशें सांगलें.

भारत फकत आपल्यो आरोग्यसेवेच्यो गरजो भागयना, तर संवसारभरांतल्या लोकांक सेवा दिता अशें तांणी सांगलें. केंद्रीय अर्थ राज्यमंत्री पंकज चौधरी ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.

Delhi Pollution – 85

वायु प्रदुशण आळाबंदा हाडपा खातीर दिल्ली सरकारान 'ग्रॅप स्टेज IV' खाला अंमलबजावणी मोहीम चड खर केल्या. प्रदुशण करपी उद्देग आनी बांदकाम सुवाती आड खर कारवाय करपाची शिटकावणी पर्यावरण मंत्री मंजिंदर सिंग सिरसा हाणी दिल्या. सरकारी निवेदना प्रमाण वट्ट 612 उल्लंघन करपी उद्योगांक बंदीचे आदेश दिल्यात, जाल्यार तीन दिसांत 1 लाखां वयर पीयूसीसी प्रमाणपत्रां जारी केल्यांत. सरकारान 3 हजारां वयर तपासणी केली, 12 हजार challans जारी केले, आनी 16 हजारां परस चड वाहनां तपासल्या. तशेंच एरिया इंजिनियरांक आनी जिल्लो अधिकाऱ्यांक रियल टाईम देखरेख दवरपाक निर्देश दिला.

CBI – 130
बेंगळुरूंतल्या कंपनी कडल्यान 3 लाख रुपयांची लांच घेवपी लश्करी अधिकारी आनी खाजगी व्यक्ती विनोद कुमार हांकां केंद्रीय तपास ब्युरोन अटक केल्या. दिल्लींतल्या लश्करी अधिकारी लेफ्टनंट कर्नल दीपक कुमार शर्मा हांच्या घरांत सोद घेतना 3 लाख रुपया लांच रक्कम तशेंच 2.23 कोटी रुपया रोख रक्कम जप्त केल्या अशें सीबीआयन सांगलें. तशेंच राजस्थानांतल्या श्रीगंगानगरांतल्या आरोपी विनोद कुमाराच्या घरांतल्यान हेर गुन्यांवकारी साहित्या बरोबर 10 लाख रुपयांची रोख रक्कम एजन्सीक मेळ्ळ्या.

एजन्सीन सांगले, विश्वसनीय सूत्रांकडलयं मेळिल्ल्या म्हायतीच्या आधाराचेर, तांणी संरक्षण उत्पादन विभागात कार्यरत आशिल्ल्या लेफ्टनंट कर्नल शर्मा आणि ताची घरकान्न, श्री गंगानगरातल्या १६ इन्फंट्री डिव्हिजन ऑर्डनन्स युनिटची कमांडिंग ऑफिसर कर्नल काजल बाली, तसेच संरक्षण उत्पादनांचे उत्पादन आणि निर्यात करपी दुबईस्थित कंपनीच्या प्रतिनिधीं आड केस नोंद केल्या. काल दोगांय आरोपीक न्यायालयांत हाजीर केल्ल्याचें सीबीआयन सांगलें. सध्या ते ह्या म्हयन्याचे 23 मेरेन पुलिसांच्या ताब्यांत आसात.

Rose – 30
राजधानी चाणक्यपुरीत भारत-आफ्रिका फ्रेंडशिप रोज़ गार्डनात कालच्यांन दोन दिसांच्या वर्सुकी विंटर रोझ प्रदर्शनाची सुरवात जाली. द रोझ सोसायटी ऑफ इंडियाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या प्रदर्शनांत देशभरांतल्या गुलाबाच्या 70 वयर जातींचो आस्पाव जाता.

Bhopal – 30
मध्य प्रदेशाची राजधानी भोपाळांत काल मेट्रो रेल्वे सेवा सुरू जाली. केंद्रीय घरनिर्माण आनी शारी वेव्हार मंत्री मनोहर लाल खट्टर आनी मुख्यमंत्री डॉ मोहन यादव हांणी हे सेवेचें उक्तावण केलें.

IMD - 65
भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दीस अस्तंत हिमालयाच्या वाठारात हिमवृष्टीचो अदमास उक्तायला. आज जम्मू - काश्मीर आनी लद्दाखात काय सुवातींनी व्हड प्रमाणांत बर्फ पडपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलें.

उदेंत उत्तर प्रदेश, झारखंड आनी बिहारात आज कुडकुडयाच्या शियाचो ऑरेंज अलर्ट हवामान खात्यान जारी केला. आज दिल्ली, उत्तराखंड, हरियाणा, चंडीगढ, अस्तंत उत्तर प्रदेश, उत्तर मध्य प्रदेश आनी बिहारात सामके दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

Badminton – 40

चीनातल्या हांगझोऊत जाल्ल्या वर्ल्ड बॅडमिंटन टूर फायनल्सच्या सेमीफायनलीत सात्विकसाईराज रंकीरेड्डी आनी चिराग शेट्टी हांका चीनाच्या लियांग वेई केंग आनी वांग चांग हांचे कडल्यान हार खावची पडली. ह्या मॅचीचो पयलो खेळ भारतीय जोडयेन जिखलो. चीनी जोडयेन दुसरो आनी तिसरो खेळ जिखून फायनलींत प्रवेश केलो.

BCCI – 60

येता त्या टी-20 विश्वचषक आनी न्यूझीलंड आडच्या टी-20 माळे खातीर 15 वांगड्यांचो भारतीय पंगड जाहीर जाला. ह्या पंगडाचो कर्णधार सूर्यकुमार यादव आनी उपकर्णधार अक्षर पटेल आसतलो. रिंकू सिंग आनी इशान किशन परतून पंगडांत आयल्यात, जाल्यार शुबमन गिल आनी जितेश शर्मा पंगडांन नात.
न्यूझीलंड आडची टी-20 माळ 21 जानेवारी सावन सुरू जातली, जाल्यार टी-20 विश्वचषक 7 फेब्रुवारी सावन सुरू जातले.

Cricket – 25

एसीसी दादल्यांच्या 19 वर्सां सकयल्या आशिया क्रिकेट कपाच्या फायनलींत आयज भारत पाकिस्ताना आड खेळटलो. ही मॅच दुबय शारांत भारतीय वेळाप्रमाणं सकाळीं 10:30 वरांचेर सुरू जातली.